**राज्यपालाची नौदळाच्या आयएनएस हंसा तळाक भेट**

ता. 18 नोव्हेंबर 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी आयज गोंयच्यो प्रथम महिला श्रीमती सुनिला राजू हांच्या वांगडा वेरे हांगाच्या भारतीय नौदळाच्या आयएनएस हंसा तळाक भेट दिली. फोगाचे अधिकारी रिअर एडमिरल अजय थिओफिलस आनी हेर अधिकाऱ्यांनी राज्यपालाक तळाचेर उपचारीक येवकार दिलो.

ह्या भेटीवेळार राज्यपाल आनी प्रथम महिला हांका अस्तंत समुद्र तटावयल्या नौदळाच्या उपक्रमांक आदार करपा खातीर आयएनएस हंसाच्या ऑपरेशनल क्षमता, धोरणात्मक म्हत्त्व हेर मुखेल कार्यांची म्हायती करून दिली. सागरी सुरक्षा, दर्यादिग देखरेख आनी मानवतावादी मदत कार्यांत नौदळाच्या भूमिकेचीय म्हायती राज्यपालाक करून दिली.

राज्यपाल आनी प्रथम महिला हांणी नौदळाच्या विमानांचे निरीक्षण केले. विमान उड्डाण, विमान कर्मचाऱ्यांचे समन्वय आनी ऑपरेशनल सुरक्षितता हाची म्हायती करून घेतली. राज्यपालान नौदळाच्या वैमानिकांनी दाखयिल्ले कौशल्य, वेवसायिकता आनी अचूकतायेची तोखणाय केली.

राज्यपाल आनी श्रीमती सुनीला राजू हांणी आयएनएस हंसाचे अधिकारी, विमानचालक आनी कर्मचाऱ्यांकडेन संवाद साधलो आनी देशाच्या सागरी संरक्षणातले तांचे समर्पण, शिस्त आनी योगदानाची प्रशंसा केली. तशेंच तळावयल्या आधुनिक पायाभूत सुविधा आनी उच्च दर्जाच्या तयारीची लेगीत तोखणाय केली.

राज्यपालान विमान हँगर्स, हवाई वाहतूक नियंत्रण प्रणाली आनी प्रशिक्षण युनिट्स, आनी ऑपरेशनल सुविधांक भेट दिली आनी नौदळ अधिकाऱ्यां कडल्यान सविस्तर माहिती घेतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/884

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.